# शालांत परीक्षेचो निकाल 28 जुलयाक

ता. 24 जुलय 2020

गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळान घेतिल्ल्या शालांत परीक्षा मार्च 2020 चो निकाल ता. 28 जुलय 2020 दिसा सांजेच्या 4.30 वरांचेर जाहीर करतले. मंडळान 21 मे 2020 ते 6 जून 2020 मेरेन ही परीक्षा आयोजीत केल्ली. 28 जुलयाक सांजेच्या 4.30 वरांचेर मंडळाचे अध्यक्ष ईएसजी परिशद सभाघर, मॅक्विनेज पॅलेस, पणजी हांगा पत्रकार परिशद घेतले. निकाल पत्रीका ता. 29 जुलय 2020 दिसा शाळांक ई-मेल करपात येतली. ता. 6 ऑगस्ट 2020 सावन गुणपत्रीका शाळांनी उपलब्ध आसतल्यो. तशेंच निकाल मंडळाच्या www.gbshsegoa.net ह्या व्हेबसायटीचेर उपलब्ध आसतलो. तशेंच gbshse.gov.in/www.gbshse.info ह्यो हेर व्हेबसायटी आसात. निकाल पुस्तीका संस्थांच्या मुखेल्यांनी gbshse.gov.in/www.gbshse.info ह्या व्हेबसायटीवयल्यान डावनलोड करून घेवची.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/412

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA